## <u>राष्ट्रपतीचे गोंयांत आगमन</u>

ता. 14 जून 2022

भारताचे राष्ट्रपती श्री. रामनाथ कोविंद हांचे आयज दनपारां गोंयांत दोन दिसांच्या अधिकृत गोंय भेटेर आगमन जालें.

तांचे आयएनएस हंसा, दाबोळी विमानतळाचेर आगमन जाले उपरांत राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई, मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, सभापती श्री. रमेश तवडकर, केंद्रीय पर्यटन राज्यमंत्री श्री. श्रीपाद नाईक, शिश्टाचारमंत्री श्री. मॉविन गुदिन्हो हांणी तांका येवकार दिलो.

उपरांत राजभवनार राज्यपाल श्री. श्रीधरन पिल्लई आनी श्रीमती रिता एस. पिल्लई हांणी राष्ट्रपती रामनाथ कोविंद आनी प्रथम महिला श्रीमती सविता कोविंद हांका येवकार दिलो.

राष्ट्रपती फाल्या ता. 15 जून 2022 दिसा दोनापावला नव्या राजभवन प्रकल्पाचो बुन्यादी फातर बसयतले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/410

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji